Akashvani Panaji 26 july 2025 regional news 7.25 am

1972 पयलीं बांदिल्ल्या 1 लाखां वयर 'बेकायदेशीर' घरांची राखण करपा खातीर गोंय सरकारान परिपत्रकां जारी केला. 1972 पयलीं बांदिल्ल्या एक लाखां वयर घरांची राखण करपाच्या हेतान गोंय सरकारान तीन परिपत्रकां जारी केल्यात, अर्जदारान वीज वा उदकाचीं बिलां सारकिले मुळावे कागदपत्र सादर केल्या उपरांत उपजिल्होधिकारी आनी पंचायत तशेंच नगरपालिका कडल्यान उपजिल्होधिकारी आनी पंचायत वा नगरपालिका कडल्यान प्रमाणपत्र मेळपाक पात्र थारतलें अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत घेतील्ल्या पत्रकिर परीशदेवेळार दीला.अर्ज करपाची प्रक्रिया 1 ऑगस्ट 2025 सावन सुरू जातली आनी प्रमाणपत्रां सादर केल्या उपरांत सात दिसां भितर अर्जाचेर प्रक्रीया जातली.उपजिल्होधिकाऱ्यान बांधकाम वसणुकेच्या वाठारांत आसा अशें प्रमाणीत करतलो, जाका लागून खंयच्याय नव्या बांदकामा खातीर ताजें सनाद गरज ना अशें मुखेलमंत्र्यान सांगलें. byte

---

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान पावसाळ्यात उत्तर गोंय वाठारांतलो खंयचोय रस्तो वा रस्त्याचो भाग, पायण वा गल्लीतलो रस्तो व ताचो भाग लेखी परवानगी घेतली बगर खंयचीय व्यक्ती, एजन्सी वा संघटनेक खणपाक बंदी लागू केल्या. पावसाळ्यात खणील्ल्या रस्त्यांचेर उदक सांठून उरता, रस्त्यावली खडी वा चिखलालक लागून निसरून पडतात तशेंच लायटीच्यो वायरी वयर आसल्यार शॉक लागपाच्यो घडणूको घडपाची शक्यताय आसता. अशा तरेन रस्त्यान चलून वचपी मनशाक, वाहनांक आनी सर्वसामान्य लोकांच्या जीवाक गंभीर धोको निर्माण जाता.

---

---

मोपा विमानतळाचे पावसाचे उदक पेडणेच्या उगवे, वारखंण्ड ,तशेंच सकयल आशिल्लया हेर गावांनी येता, हाका लागुन लोकांच्या घरांनी , शेतांनी तशेचं हेर वाठारांनी दक साचुन रावता हो प्रस्न सुटावो करपाखातीर सराकरान उदक वचपाखातीर वाट करची

अशी मागणी पेडेणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी विधानसभा अधिवेशनाच्या शुन्य वराक केल्या.जाल्यार आमदार जीत आरोलकार हांणी वेलंकानी वचपी ट्रेन सदाच बुंकीग करपाक गेल्यार फुल दाखयता. भाविकांक हांगा वचपाक तिकीटी मेळना, एज्न्टंस पयलीच ह्यो तिकीटी घेतात, ताका लागुन संबंदित प्रस्न उप्रासला.सरकरान केंद्रिय रेल्वे मंत्रालयाकेड उलोवन हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी जीत आरोलकार हंणी केला BYTE.मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार मुरगांवा कोळसो येरदारीक लागुन वाऱ्याचे प्रदुशण जाता, तशेच ह्या प्रदुशणाक लागुन लोकांच्या भलायकी ईबाडटा. सराकारान जाता तितल्या बेगीन हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी शुन्य वराक केला BYTE. जाल्यार आमदार विरेश बोरकार हांणी म्हादोळच्या जायो हयो बऱ्योच फामाद. मात ज्या सुवातीचेरं ह्यो जायो लायतात, त्या शेतकारांच्या वेवसायाचेंर सध्याक हावळ आयल्या, जायो लायतात त्या सुवातीक उजो घालपाची सत्रा सुरु जाल्यात. उजो नेमको कोण घालता , ते सोदुन काडुन शे करप्यांचेक कायद्यावरवी खर कारवाय जावपाक जाय. देखुन सरकरान जायो रोवपी ह्या शेतकारांचो प्रस्न सरकारान जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी विरेश बोरकार हांणी केल्या. BYTE

---

---

पणजी वेधशाळेन कळीत केल्ल्या प्रमाण चडांत चड तापमान २९ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यत उणें तापमान २५ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

---

क्रिकेटांत आयज मॅनचेस्टरांतल्या ओल्ड ट्रॅफर्डांत जावपी अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीच्या चवथ्या कसोटीच्या चवथ्या दिसा भारता 7 धांवड्यो करून 544 धांवड्यो मेळोवन येजमान इंग्लंड पयल्या डावाचो खेळ परतून सुरू करतले.